राजश्री कामत  प्रादेशिक खबरो 20.११.२०२५ @ 7.25 am

इफ्फी 70

५६ वो आंतरराष्ट्रीय भारतीय चित्रपट महोत्सव (IFFI २०२५) आज पासून सुरू जाता. हो उल्लेखनीय कार्यक्रम जागतिक चित्रपटसृष्टीचो एक भव्य उत्सव.  ८१ देशांमधले २४० परस चड  चित्रपट प्रदर्शित करतले. महोत्सवाची सुरुवात पणजीत  एका उत्साही स्ट्रीट कार्निव्हलन जाता जातुन, सांस्कृतिक गट, निर्मिती संस्था आणि राज्य प्रतिनिधींचो आसाव असा. हाका लागुन दनपारा सावन पोरणे सचिवालय ते कला अकादेमी मरेनची येरादारी दुसरे वटेन वळयल्या. सिनेमाची जादू अणभवाची आणि कथाकथनाची कला मनोवपाची ही संध वगडाव नाकात BYTE

रश्मी 40

मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी काल राती iffi महोत्सवाच्या तयारेची esg, inox वाठारात प्रत्यक्ष येंवन पळोवणी केली. iffi ची सगळी तयारी पुराय जाला. प्रतिष्ठित, नाविन्यपूर्ण आनी आगळ्या वेगळ्या पद्धतीन पयलेच फावट iffi चो उक्तावण सुवाळो जातलो.3 वरामेरेन लोकांनी येवन इफ्फीक हाजेरी लावची,film float parade हे अंदुच्या महोत्सवाचे खाशेले आकर्शण आसतले अशे मुखेलमंत्र्यान म्हळा. iffi खातीर सुमार 7 हजारावयर प्रतीनीधी नोंदणी जाल्या गोयात फील्म कल्चर रूजपाच्या हेतान गोंय सरकार काम करता अशे मुखेलमंत्र्यान म्हळा. ह्या वेळार गोंय मनरिजवण संस्थेची उपध्यक्ष आमदार डीलायला लोबो,तशेंच मुखेल अधिकारी आश्वीन चंद्रु तशेंच हेर मानेस्त हाजीर आशील्ले,

रश्मी 90

राज्यात वाडट्या गुन्हयावाच्या फांटभुयेर प्रमोद सावंत हांणी गोंय पुलिशेच्या अधिकाऱ्यावांगडा बसका घेतली.आल्तीन्हो पणजी जाल्ल्या ह्या बसकेक पुलिस म्हासंचालक आनी पीलिस म्हानिरीक्षकासयत वरिश्ठ पुलीस अधिकारी हाजीर आशील्ले.राज्यांतल्या कायदो आनी सुवेवस्थेच्या परिस्थितीचो नियाळ घेवपा खातीर उच्च पांवड्यावेली बसका घेतल्या अशी म्हायती ह्या बसकेउपरांत मुखेलमंत्र्यान दील्या. घरफोडी सारके गुन्यांव परतून जावचे न्हय हाची खात्री करून अशा गुन्हयावाआड कडक कारवाय,तशेच गुन्हो घडचो न्ही म्हण सुरक्षेचे उपाययेवजण्यो करचे असो आदेश मुखेलमंत्र्यान पुलीशेक दीला. Byte

रश्मी 40

Goa chamber of commerce and industry वतीन Goa Agri start up conclav 2025 ह्या शेतकी वीशयक एका दीसाचे परीशदेचे आयोजन केला.ह्या परीशदेत 200 वयर गोंयचे शेतकी मळावेले जाळवणदार वाटो घेतले अशी म्हायती gcci चे शेतकी विभाग मुखेली महेश पाटील हांणी दील्या. Byte

SIR २०२६ रील – 6०

गोंयच्या मुखेल वेचणूक अधिकारी कार्यालयान नागरिकांक तांचे गणना फॉर्म सादर करपाक ऊर्बा दिवपाखातीर SIR २०२६ रील सर्तीचे आयोजन केला. हे सर्तीत वाटेकार जातात तांणी ह्या उपक्रमाचो प्रचार करपाखातीर ६० ते ९० सेकंदांची इंस्टाग्राम रील तयार करून सीईओ गोवा हँडलाक टॅग करून ती पोस्ट करची. रील लिंक DM वरवी लेगित धाडू येता. २५ नोव्हेंबर मेरेन प्रवेशिका खुली आसतली.

चेस 75

फिडे विश्वचषक 2025 सर्तींत भारताचे आव्हान काल सोंपलें. देशांतलो निमाणो उरिल्लो खेळगडो अर्जुन एरिगायसीक  क्वार्टर फायनलींत टायब्रेकांत चीनाच्या वेई यी कडच्यान पराभव पत्करचो पडलो .सव्या फेरयेंतले दोनूय खेळ बरोबरीत सोंपले उपरांत मॅच टायब्रेकांत गेली. पयलो रॅपिड गेम बरोबरीत जालो, पूण दुसरो रॅपिड गेम अर्जुन हारलो. अर्जुन भायर पडल्या उपरांत भारताची विश्वचषकाची आस्त सोंपल्या. सर्तींत तीन उमेदवारांची सुवातिची आस आशिल्ल्यान ही हार भारता खातीर खास करून संवसारांतल्या उत्कृश्ट बुध्दिबळ प्रतिभेचें केंद्र मानतात त्या देशाकएक व्हड धपको.

वेदर 30

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान ३3 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान २१.६ डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. राज्यात वातावरण सुके आणि वताळ आसतले. हलके ते मध्यम प्रमाणात धुके पातळू येता अशे वेधशाळेन म्हणला